



# 4 धा तयार करप

## टिपक्यांचें भिकूण आनी तिचे प्रकार

तुमी बायल भिकुणांक पळयल्यां?
तिच्या आंगार टिंब आसात.
तुमी केन्नाय कितले टिपकें आसात ते मोजल्यांत?



1. दरेकां भिकुणांचेर कितले टिपकें आसात तें बरयात.











2. चिंचेच्यो बियो, मणी, बुतांव, तिकल्यो आदींचो वापर करुन कांय टिपक्यांच्यो आकृती तयार करात आनी दरेके कडेन कितले टिपकें आसात ते सोदात.



© NCERT not to be republished


3. तांबड्या *तिकळ्यां* वरवीं तयार केल्लें आंकडे वळखून बरयात.





## आतां खेळया...

4. तुमच्या इश्टां सयत खेळांत. फांसो उडयात आनी फांश्याचेर जितले आंकडे आसात, तितल्या आकड्यांचें बॉक्स रंगयात. तुमच्या इश्टां सयत डाव बदलून खेळात.



खंयचोय रंग निवडात आनी सकयल दिल्ल्या बॉक्सान भरात.

म्हजो रंग

इश्टाचो रंग



ज्या भुरग्यांन सगळ्यांत चड बॉक्सां रंगयल्यांत तो जिकतलो.

टिपक्यांचो आनी रंगीत कार्डांचो भुरग्यांक आंकडे मोजतना याद करपाक आदार जातलो.



© NCERT not to be republished

## निसटते बुतांव

गोला माकड आपलो चार बुतावांचो आवडटो शर्ट घालता. ताणें पोरसांत वचून आपली आवडटी खूब केळीं खाल्लीं. उपरांत कितें जालें आसतलें अशें तुमकां दिसता?

ताचो एक बुतांव भायर पडलो. पूण तो केळीं कशींच सोडपाक तयार नासलो आनी एक एक बुतांब शेणयत रावता.



चार



☐ बुतांव



तीन



☐ बुतांव



दोन



☐ बुतांव



एक



☐ बुतांव



शुन्य

0 बुतांव

खोमसाचेर निमणे कडेन कितले बुतांव उरल्यात ताचेर चर्चा करात. ज्या वस्तूंचो, गजालींचो आंकडो शून्य आसा ताचेर भुरग्यांक उलोवपाक लायात. एक, दोन ह्या आंकड्यावरी शून्य हो एक आंकडोच . भुरग्यां कडेन योग्य आहार आनी अतिउश्णतेचें दुश्यपरिणामां विशीं उलयात.



© NCERT not to be republished

झाडाच्या खांदयेर कितलीं सवणीं बसल्यात ते बरयात.



## 0 बरयात

## चिंतात आनी सांगात

1. रातच्या वेळार तुमकां कितलें सुर्य दिसतात?
2. दनपारच्या वेळार तुमकां कितलें चंद्र दिसतात?


प्रत्यक्ष वस्तूंचो वापर करून दर फावटीं एक एक वस्तू कमी करीत शुन्याची संकल्पना मांडात. खंयची गजाल ना आनी ताका शून्य कशें म्हणटले ताचेर उलयात, देखीक वर्गांत शून्य बशी आसात. तशेंच भुरग्यांक निमणे कडल्यान आंकडे मेजपाक प्रोस्ताहीत करात, देखीक 5 ते 0, 9 ते 0



© NCERT not to be republished


## धावो वाडदीस

आस्थाचो धावो वाडदीस. ताच्या बापायन ताचे खातीर *हलवो* केल्लो. ताणे आपलो वाडदीस आपल्या इश्टां सयत मनयलो.






म्हाका 9 वर्सां आनी एका वर्सा उपरांत हांव धा वर्सांचें जातलें.
देखून णव आनी एक मेळून धा जाता.



तांणे आपल्या वाडदिसांक *दिवें* पेटयल्यांत. मेजात आनी वस्तूंचो आंकडो बरयात.




| मणी | *लाडू* | क्रेयोन्स | केळीं | पानां |
|---|---|---|---|---|
| | | | | |

© NCERT not to be republished


## आता करया

~~A. Count and draw beads to make a string of 10 beads.~~


i.



ii.



iii.




iv.




2. बुतांवांच्यो धा फ्रेमी तयार करपाक लागपी बुतांवांची चित्रां काडात


i.




ii.



iii.






iv.



© NCERT not to be republished

## पांच आनी धा (हातांचो खेळ)

नमुन्यांचेर पाळो दिवन बडयेन वेगळी केल्ल्यो संख्येच्यो जोडी बरोवंच्यो.


| | |
|---|---|
|  | एक आनी चार |
|  | __ आनी __ |
|  | __ आनी __ |
|  | __ आनी __ |
|  | __ आनी __ |



### आतां खेळया...




तीन बोटां दाखयात. तुमच्या इश्टान कांय बोटां दाखोवपाक जाय जेणे करुन 5 बोटां जातलीं.

















© NCERT not to be republished

## धा'ची जोडी

आमच्या दोनूय हातांच्या बोटांचो खेळ खेळया. भुरगें आपलीं कांय बोटां दाखयतलें. दुसऱ्या भुरग्यांन धांपिल्लीं बोटां दाखोवपाक जाय.

दिल्ल्या नेमां प्रमाण आंकड्याच्यो जोडयो दिल्ल्या तकट्यांत बरयात.

| | | | |
|---|---|---|---|
|  |  | = |  |
| 1 | 9 | = | 10 |
|  |  | = |  |
| | | = | |
|  |  | = |  |
| | | = | |
|  |  | = |  |
| | | = | |
|  |  | = |  |
| | | = | |

© NCERT not to be republished



## कार्डांचो खेळ खेळयां




### आंकड्यांचीं कार्डां (0 ते 10चो संच)

सगळीं कार्डां परतीं करून दवरात. एका भुरग्यांक कार्ड काडपाक लावप आनी आरतें करपाक लावप.  हेर भुरग्यांनीय तशेंच करप. जर सगळ्या कार्डांच्यो जोडयो मेळून धा जातात जाल्यार  दुसऱ्या भुरग्याक दोनूय कार्डां काडपाक सांगप. उपरांत ज्या भुरग्यांन पयलीं कार्ड वेंचिल्लें ताचे कडेन निवडपाचो डाव वतलो.



## 20 आंकड्या मेरेन मेजप









सिमरन नागपूर रावता. तें आपल्या बापायक संत्रांच्यो पेटयो बांदपाक आदार करता. एका पेटयेंत फक्त 10 संत्रां जातात. आतां संत्रांचो आंकडो मेजुया.

| | | |
|---|---|---|
|  | **धा** | **10** धा |
|  | **धा** आनी **एक** | **11** अकरा |
|  | **धा** आनी **दोन** | **12** बारा |

चर्चा करून भुरग्यांत 5 आनी 10ची फाळणी समजुपाक तशेंच याद उरपाक आदार करात. जेन्ना 5ची फाळणी करतात तेन्ना जर शिक्षक 2 म्हणटा, जाल्यार भुरग्यांन 3 म्हणपाक जाय . तशेंच जेन्ना 10ची फाळणी करतात जर शिक्षक 4 म्हणटा, जाल्यार भुरग्यांन 6 म्हणपाक जाय. ह्या वेळार भुरगीं 10च्या मुखार मोजपाक लागतात. सदांच एक आंकडो आदल्या आंकड्या परस चड आसता ह्या गजाली कडेन लक्ष केंद्रीत करात.



© NCERT not to be republished

| | | |
|---|---|---|
|  | 10 आनी 3 | 13 तेरा |
|  | 10 आनी 4 | 14 चवदां |
|  | 10 आनी 5 | 15 पंद्रा |
|  | 10 आनी 6 | 16 सोळा |
|  | 10 आनी 7 | 17 सतरा |
|  | 10 आनी 8 | 18 ~~Eighteen~~ |
|  | 10 आनी 9 | 19 एकोणीस |
|  | 10 आनी 10 | 20 वीस |

© NCERT not to be republished

11 ते 20 मेरेन आंकडे बरयात.

| 11 | 12 | 13 | 14 | 15 | 16 | 17 | 18 | 19 | 20 |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | | | 14 | | | | | 19 | |
| | | | | | | 17 | | | |
| 11 | | | | | | | | | 20 |
| | | 13 | | | | | 18 | | |
| | | | | 15 | | | | | |
| | 12 | | | | | | | 19 | |


© NCERT not to be republished


एकक आनी दशक वापरुन  20 मेरेनचे आंकडे कॉंक्रिटाच्यो वस्तूं  घेवन मोजपाक आदार करात. तांका  20 परस कमी मुठभर बियो वा बुतांव दियात. तांका पयलीं आंकडो वळखपाक लायात आनी उपरांत गट करून मोजात. अंदाज कितलो लागीं आशिल्लो? भुरग्यांक तांच्या अंदाजाचेर उलोवपाक लावप.



## मेजात आनी बरयात


1. मेजात आनी जोप बरयात.





2. आंकडो दाखोवपा खातीर दशकी चौकट रंगयात


**14**



**19**



**16**







3. आंकडे क्रमान बरयात.


| | | | |
|---|---|---|---|
| 1 | | 3 | |
| 8 | | 6 | |
| 9 | | | 12 |
| | 15 | | |
| | | | 20 |

© NCERT not to be republished

4. धा आंकड्याच्या गटां भोवतणी वर्तूळ करात आनी आंकडो जुळयात.

| | |
|---|---|
|  | 17 |
|  | 16 |
|  | 20 |
|  | 10 |

5. इश्टांचो एक गट खांबो बांदपाचो खेळ खेळटना



i. उंच खांब्याक ✓ अशी खूण करात.

ii. खंयच्या खांब्याक चडांत चड कुडकें वा ब्लॉक्स लागले? कितले कुडकें वा ब्लॉक्स लागले ते बरयात.

iii. खंयच्या खांब्याक कमीत कमी कुडकें वा ब्लॉक्स लागले? कितले कुडके लागले ते बरयात.

© NCERT not to be republished



## आतां करुया

1. सगळ्यांत धाकट्या आंकड्याक वर्तूळ करात.

   i. 8, 12, 6 ii. 14, 11, 19

2. सगळ्यांत व्हडल्या आकंड्याक वर्तूळ करात.

   i. 16, 19, 11 ii. 11, 17, 9

3. लिपील्लो आंकडो सोदून काडात.

| | |
|---|---|
| i. | , 15, 16, , 18 |
| ii. | , 12, , 14, 15 |
| iii. | 15, , , , 19 |
| iv. | 13, , 15, , |



4. दिल्ले आंकडे व्हड ते ल्हान ह्या वळेरेंत लायात. 11, 3, 16, 20, 13, 9


| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| | | | | | |


भुरग्यांक तांच्या मार्गान खंयचो आंकडो व्हड तें थारावपाक लावप. तांणी तशें कित्याक थारायलां हाचेर तांका विचारात. भुरग्यांक 15 हो आंकडो 11 परस चड कारण 4 आंकडे 11 परस चड आसात तशेंच 20 मेरेनचें गणीत कळपाक वा समजपाक जाय.



© NCERT not to be republished

5. मोजयां आनी बरोवया






i. एकूण कुडके वा ब्लॉक्स

ii. एकूण धवें टिपकें

6. 1 ते 20 आंकडे जुळयात.




हे सवणें काय जनावर?




## प्रकल्पाचें काम

i- तुमच्या भोंवतणच्या गजालींचो सोद घेयात ज्यो 10च्या गटान आसात. देखीक; *तिकळ्यांच्या* पाकीटांत जातूंत 10 *तिकळ्यो* आसातात.

ii- 10 ते 20 आंकड्यांचीं भुरग्यांक कार्डां करपाक लायात. ते आदले पुठ्ठे, टाकावू वस्तूं आदीं हांचो वापर करपाक शकतात.

10च्या मुखार वस्तूं मोजतना भुरग्यांक 10चो गट वळखपाक प्रोत्साहीत करात.





© NCERT not to be republished